# **निरोगी जीणेखातीर समतोल आहार म्हत्त्वाचो : डॉ. बोरकर**

ता. 12 सप्टेंबर 2022

भलायकी सेवा संचालनालयाच्या राज्य कुटुंब कल्याण मंडळान आयज राष्ट्रीय पोशण सप्तकानिमतान फर्मागुडी फोंडेच्या पीईएस उच्च माध्यमिक विद्यालयांत मुळावें भलायकी केंद्र, फोंडा आनी पीईएस उच्च माध्यमिक विद्यालय हांच्या समन्वयान सायक्लोथॉन आनी वॉकाथॉनचे आयोजन केल्ले.

भलायकी सेवा संचालनालयाचे मुख्य वैजकी अधिकारी डॉ.राजेंद्र बोरकर हांणी कार्यक्रमात उलयतना मनशाच्या निरोगी जीणेखातीर समतोल आहार म्हत्वाचो आशिल्ल्याचे सांगलें. आमच्या समाजात एकेवटेन कुपोशणाक लागून जाल्यार दुसऱ्या वटेन फास्ट फूड सेवनाक लागून भलायकेच्यो समस्या निर्माण जायत आसात, अशें सांगून तांणी सकस आहार घेयात, निरोगी जीण जगात, निरोगी विचार करात, असो सल्लो दिलो.

कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयतना फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री रितेश नाईक हांणी भलायकी बरी उरपाखातीर मनशान पुश्टीक आनी समतोल आहार घेवपा वांगडाच नेमान व्यायाम करपाची गरज उक्तायली.

फोंडेच्या मुळाव्या भलायकी केंद्राच्यो अधिकारी डॉ. स्मिता पार्सेकर हांणी येवकाराच्या उलोवपात लोकांमदी पुश्टीक आनी समतोल आहारविशीं जागृताय करप हो राष्ट्रीय पोशण सप्तकाचो उद्देश आशिल्ल्याचे सांगलें.

पीईएस उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे प्राचार्य श्री विश्वास रायकर, भलायकी शिक्षक श्री रावजी पाळणी, भलायकी सेवा संचालनालयाचे डॉक्टर आनी परिचारिका कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ल्यो.

सुरवातीक मानेस्तांनी बावटो दोखोवन सायक्लोथॉन आनी वॉकाथॉन रॅलीक सुरूवात केली.

डॉ.धनश्री बखले हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/526

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji